Akashvani Panaji regional news 7.25 am 4th September 2025

Kamat 90 rashmi/ganesh

अभियंत्यां कडल्यान म्हायती घेवन खड्डे पुरोवपा वांगडा राज्यांतल्या गरजेच्या रस्त्यांची प्राधान्यान दुरूस्ती जातली, अशें भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी स्पश्ट केलां. खात्याच्या अभि/यं/त्यांची बसका घेवन एकंदर नियाळ घेतले उपरांत उण्या आनी दिर्घ काळांतल्या कामांचो आराखडो तयार करतले. रस्त्यांची दुरूस्ती प्राधान्यान हातांत घेतले. हातूंत गांवगिरो आनी शारी असो भेदभाव करचे ना, अशे दिगंबर कामत हांणी म्हणला. वीज मंत्री म्हूण जशे हांवे नवे उपक्रम सुरू केल्ले तशे उपक्रम भौशीक बांदकाम खात्यात हांव सुरू करतलो, अशें तांणी सांगलें.

Sushant cyber 185

महाराष्ट्र परवानाधारक सेवा क्षेत्र आणि महासंचालक दूरसंचार मुख्यालय हांच्या जोडपालवान दूरसंचार विभागान काल गोयात सुरक्षा संबंधित वर्सुकी पश्चिम क्षेत्रीय परिषदेचे आयोजन केले. दूरसंचार क्षेत्रांत क्रांती जाल्या तरी ताचो गैरफायदो घेवपी सायबर गुन्यांवांतय वाड जाल्या. ताचेर आळाबंदा हाडपाचे सगळे यत्न चालू आसात. लोकांक विस्वासांत घेवन सेवा दिवपाक आमी कटिबद्ध आसात अशें आश्वासन दितना दूरसंचार खात्याचे केंद्रीय सचीव डॉ. नीरज मित्तल हांणी अशा गुन्यावांचेर नियंत्रण हाडपाखातीर संचार साथी ॲप सुरु केला.दक्षिण गाोंयांतल्या केळशी ह्या वाठारांत अस्तंत विभाग दूरसंचार खात्याची सुरक्षा परिशद सुरु जाल्ली आसून मित्तल हांणी आयज ह्या परिषदेचे आभासी पद्धतीने उक्तावण केलें. ह्या वेळार दूरसंचार खात्याच्यो सरव्यवस्थापक सुनीता चंद्र हाजीर आशिल्ल्यो. जायते सायबर गुन्यांव सोदून काडल्यात, तातूंत बिहार, तमिळनाडू सारक्या हेर राज्यांनी गुन्यांव घडल्यात अशें तांणी सांगलें.

गणेश गवर्नर 92

घरां अधिकृत करपी तीन तरेकवार विधेयकांक राज्यपालांनी मान्यताय दिल्या. हे विशीची अधिसूचोवणी जारी जाल्या. सरकारी जमनींतलीं, कोमुनिदाद जमनींतलीं आनी स्वताचे सुवातेवेलीं अनाधिकृत घरां अधिकृत करपाची तरतूद आशिल्लीं तीन स्वतंत्र विधेयकां अधिवेशनांत संमत जाल्लीं. legislative डिप्लोमा दुरूस्ती कायद्याच्या आधारार कोमुनिदाद जमनींतलीं २८ फेब्रुवारी २०१४ पयलीची ३०० चौखण मीटर मेरेनचीं घरां वा बांधकामां अधिकृत करतले. ते खातीर अर्ज करून संबंदीत कोमुनिदादीची मान्यताय घेवची पडटली. सरकारी जमनींतलीं अनधिकृत घरां/बांधकामां अधिकृत करपाक भूमहसूल कायद्यांत दुरूस्ती जाल्या. तशेंच स्वताच्या जमनींतल्या पंचायत वाठारंत ६०० चौखण मीटर जाल्यार नगरपालिका वाठारांत १ हजार चौखण मीटर मेरेनचीं बांदकामांय आता अधिकृत जातली.

Ganesh cm 55

जीएसटी परिषदेची छापन्नावी बसका आज नवी दिल्लीत सुरू झाली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण या दोन दिसांच्या बसकेचे अध्यक्षस्थानार आसात. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत नवी दिल्लीत ह्या बसकेक हाजीर अशील्ले. तशेच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्लीत केंद्रीय वाणिज्य मंत्री पियुष गोयल हांची भेट घेतली. उद्येग आनी वेपार वाडोवपावीशी चर्चा जाल्लाची माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिली.

Conclave Rashmi ६५

PR council of india mhanlyar भारतीय जनसंपर्क मंडळ वतीन एकोणिसावी global conclave communication सव्वीस आनी सत्तावीस संप्टेबराक कदंबा ferns ह्या हाॅटेलात आयोजित जातली .दोन दीसाच्या ह्या परीशदेत अडीज्शे प्रतीनीधी वाटो घेतले. PR मळावेले तज्ञ,media , तशेंच हेर मळावेले मानेस्त हातुन वाटो घेतले.जाल्यार लंडन,स्वीझरलॅण्ड श्रीलंका आनी,नेपाळचे प्रतीनीधी लेगीत ह्या परीशदेत वाटो घेतले अशी म्हायती ह्यावेळार PR council of india चे मुखेल मार्गदर्शक m.b jairam हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीली.

Weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान tapman २४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports

काल सावन स स्प्टेंबर मेरेन कांपालाच्या इंडोर स्टेडियमांत आंतर राज्य अस्तंत विभागाची बेडमिंटन सर्त जातली.ही सर्त भारतीय बेडमिंटन म्हासंघाच्या पालवान जाली.